# अल्पसंख्यांक विद्यार्थी शिश्यवृत्ती येवजणेखातीर मुदतवाड

ता. 9 ऑक्टोबर 2017
17 आश्विन 1939

राष्ट्रीय शिश्यवृत्ती येवजणेखाला अल्पसंख्यांक समाजातल्या विद्यार्थ्यांक प्री-मॅट्रीक, पोस्ट मॅट्रीक आनी मॅरीट कम् मिन्स शिश्यवृत्ती येवजणेखातीर ऑनलायन अर्ज करपाची मुद्दत ता. 31 ऑक्टोबर 2017 मेरेन वाडयल्या.

50 हजारासकयल्या रक्कमेच्या शिश्यवृत्तीची प्रक्रीया संस्था पातळीचेर दवरल्या आनी 50 हजारावयल्या रक्कमेच्या शिश्यवृत्तीखातीर अर्ज पोर्टलाचेर अपलोड करपाचे. चड माहितीखातीर पालवी संचालक, समाज कल्याण संचालनालय पणजी (फोन नं. 2232257/2223784, ईमेल socialwelfaregoa @rediffmail.com हांगा संपर्क करचो.